<u>आकाशवाणी पणजी</u>

<u>प्रादेशिक खबरा विभागा</u>

<u>Panaji National</u>

7.5.2026 6.30 pm

<u>Pm</u>

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला की, आतंकवादचो पराभव करपाक आणि आतंकवादक चालना दिवपी व्यवस्था मोडून उडोवपाच्या निर्धारार देश ठाम आसा . 'ऑपरेशन सिंदूरक एक वर्स पुराय जाल्ल्या निंमतांन एका सोशल मीडिया पोस्टत , मोदी हाणी सांगले की, या मोहिमे वरवीं भारतीय सशस्त्र दलांनी अतुलनीय शौर्य aani दृढनिश्चय darshayle. पहलगामत निष्पाप भारतीयांचेर हल्ला करप्यांक सशस्त्र दलांनी फावो ते उत्तर दिले अशे तांणी म्हणले pm byte

<u>Janani</u>

देशातली माता आणि भुरगी भलायकी सेवा अधिक घटमुट करपाच्या दिशेन एक महत्त्वपूर्ण पाऊल म्हणून भलायकी आणि कुटुंब कल्याण मंत्रालयान 'जननी' mhnlyar Journey of Antenatal, Natal and Neonatal Integrated Care) सुरू केला. जननी ही एक डिजिटल माची , जे बायलांच्या डिजिटल भलायकी नोंदींचे सर्वसमावेशक निरीक्षण आणि जतन करपाक तयार केला. मंत्रालयान सांगले की, आज मेरेन या माचयेर एक कोटी chavtis लाख लाभार्थ्यांनी नोंदणी केल्या. बायटेरा आदीची जतनाय, बायटेर, बायटेरा उपरांतची जतनाय नवजात भुरग्याची जतनाय, घरगुती नवजात आणि लहान भुरग्याची जतनाय , आणि कुटुंब नियोजन यांसारख्या माता आणि भुरगी भलायकी सेवांचो अखंडपणान फाटपुरावो करप ही हाची मोख आसा.

<u>mandviya</u>

कामगार आणि रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया यांनी आज नवीन कामगार कायद्यांतर्गत ४० वर्सां आणि त्या परस अधिक वयाच्या कामगारां खातीर देशव्यापी वर्सूकी भलायकी तपासणी उपक्रमाचो शुभारंभ केलो. हो उपक्रम व्यावसायिक भलायकी प्रणाली मजबूत करपाच्या आणि भारताच्या कामगार वर्गाक सर्वसमावेशक भलायकी

सेवा उपलब्ध करून दिवपाच्या दिशेन एक महत्त्वपूर्ण पाऊल आसा. हे विशी डॉ. मांडविया हांनी म्हणाले की, सरकारन फक्त रोजगार दिवपाचेरूच न्हय  तर मध्यमवर्गीय आणि आर्थिक दृष्ट्या दुर्बळ घटकांक सामाजिक सुरक्षा सुनिश्चित करपाचेरूय लक्ष केंद्रित केला

<u>सोनोवाल</u>

केंद्रीय बंदर, जहाजबांधणी आणि जलमार्ग मंत्री सरबानंद सोनोवाल हांणी म्हणाले की, आज भारत स्थिरतेचो एक खंबीर आधारस्तंभ म्हणून उबो आसा जो सामायिक उदका क्षेत्रात जलद संकट/कालीन मदत आणि सुरक्षिततेची हमी दिता. मंत्री नवी दिल्लीत १० व्या हिंद महासागर संवादात उलयताले. सोनोवाल हांणी म्हणले की, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या फुडारपणाखाला भारत एक सुरक्षित, सर्वसमावेशक आणि समृद्ध हिंद महासागर क्षेत्र सक्रियपणान घडयता. मंत्र्यान म्हणले की, 'ग्लोबल साउथ' खातीर एक लवचिक आणि फुडारा खातीर सज्ज दर्या वातावरण निर्माण करपाक, भारत 'हिंद महासागर रिम असोसिएशन'च्या अत्यंत रचनात्मक अध्यक्षपदाची अपेक्षा करता

<u>Announcement</u>

ही आसा एक कळोवणी आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी ‘खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर ,पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी- इंग्लीश अणकार करपाचें कसब ,प्रसारणाखातीरयोग्य आवाज जाय. अर्ज करपाची निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा.

<u>आयपीएल 45</u>

आयपीएल क्रिकेटात, काल राती सनरायझर्स हैदराबादान पंजाब किंग्साचो तेत्तीस धावड्यानी पराभव केलो. सनरायझर्स हैदराबादान दिल्या दोनशे छत्तीस धावड्याची मोख गाठताना, पंजाब किंग्स निर्धारित २० षटकांत सात गडे वगडावन २०२ धावडयो

करपाक शकलो. आज, लखनौ सुपर जायंट्साचो खेळ लखनौत रॉयल चॅलेंजर्स बंगळूर आड जातलो. खेळ सांजे ७.३० क सुरू जातलो

Imd

भारतीय हवामान विभागान फुडलें दोन दिवसांत केरळ, माहे, दक्षिण अंतर्गत कर्नाटक, तामिळनाडू, पुद्दुचेरी आणि कराईकल हांगा काय सुवार्तींनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . हवामान विभागानदिल्या म्हायतीप्रमाणं फाल्या मेरेन उत्तर प्रदेश, आंध्र प्रदेश, बिहार, छत्तीसगड आणि गोय या राज्यांत विजांच्या कडकडाटासंयत वादळी वारे मारपाची शक्यताय आसा .

आणि इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो आकाशावणी पणजी केंद्राचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूक मेलटले फल्या सकाळी आठ वर चाळीस मिंटचेर नमस्कार